Panaji National News

26 April 2026 6.30pm

तमिळनाडूंतल्या कल्पकम हांगाच्या फास्ट ब्रीडर रिएक्टरान  यश मेळोवन भारताचो अभिमान वाढईल्या खातीर देशांतल्या अणु शास्त्रज्ञांची आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केली. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मान की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी म्हणलें की,.भारताच्या अणुऊर्जा प्रवासांतलो हो इतिहासीक मार्गदर्शक फातर ठरला nuclear reactor पुरायपणान देशी तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून बांदला अशें तांणी स्पश्ट केलें.ही शक्त भारताक मुखार व्हरता अशें सांगून प्रधानमंत्री मोदी हाणी  पावन उर्जेच्या शक्ती विशींय उलोप केले . भारतान हालीं वाऱ्याच्या उर्जेच्या मळार एक व्हडलें यश साध्य केलां हें लक्षांत घेवन तांकां खोशी जाली. मन की बात ह्या आयच्या कार्यावालीन  प्रधानमंत्री मोदी हांणी चालू आशिल्ल्या जनगणना मोहिमेक उजवाड घालो. संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली जनगणना मोहिमेची जाणविकाय दरेका भारतीयाक आसूंक जाय अशें तांणी सांगलें. 2027 वर्साची जनगणना डिजिटल केल्या आनी सगळी म्हायती थेट डिजिटल स्वरुपांत नोंद जाता अशें श्री मोदी हांणी विस्तारान सांगलें.मे म्हयन्याच्या पयल्या दिसा बुध्द पूर्णिमा मनयतना मे म्हयनो पवित्र वातावरणात  सुरु जाता. अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.भारतीय राष्ट्रीय अभिलेखागारान 20 कोटी वयर अमूल्य दस्तावेज डिजिटल करून भौशीक केल्यात अशेंय प्रधानमंत्री हांणी सांगले.. ह्या दस्तावेजांत भोजपत्राचेर बरयल्लीं सातव्या शेंकड्यांतली गिल्गीत हातबरपां, आनी आठव्या शेंकड्यांतलो एक मनोरंजक सिरिभूवलाय ग्रंथ आस्पावता अशें ताणें उजवाडाक हाडलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा सावन उत्तर प्रदेशाक दोन दिसांच्या भोंवडेर वतले. आपल्या भेटीच्या पयल्या पावडयर  श्री मोदी वाराणसींतल्या महिला सम्मेलनांत वांटो घेतले आनी थंय ते 6 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळया उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घालतले.

भारताची तंत्रीक क्षमता फुडल्या दशकांत राश्ट्रीय बळगे ठरतली  अशें विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी सांगलां.अमेरिकेंतल्या लॉस एन्जेल्सांत जाल्ल्या पॅन-आयआयटी पूर्ववर्ती परिशदेंत व्हर्च्युअली संबोधन करतना मंत्री हांणी अशे  सांगलें. ह्या निमतान डॉ सिंग हाणी भारताक उदयाक येवपी तंत्रगिन्यानाच्या मळार संवसारीक फुडारी म्हूण उबो रावपाचो उलो मारला. देशान तंत्रगिन्यानाचो गिरायक जावपा परस फुडें वचून नवनिर्माणाचो निर्मातो, डिझायनर आनी जागतीक चालक जावपाक जाय अशें तांणी सांगलें.तशेंच शिक्षण आनी संस्था उबारपाच्या नव्या मॉडेला वांगडाच शिक्षणीक मळार, उद्देगधंदे आनी सरकार हांचे मदीं खोलायेन सहकार्याची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

2025-26 वर्साच्या गंव उत्पादनाच्या परिस्थिती संबंदी कांय माध्यमांनी दिल्ल्या अहवालांक जाप दितना सरकारान स्पश्ट केलां की कांय वाठारांनी हवामान संबंदीत आव्हानां आसून लेगीत देशांत गंवाचें उत्पादन बरे आसा. शेतकार आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान, शेतकारांनी घेतिल्ल्या उपायांक लागून गंवाच्या हंगामाक आदार मेळ्ळा अशें सांगलां. हें पीक अदमासाक 3.34 कोटी हेक्टरां वयर पेरलां, हंगामांत मुखेल किडी वा रोगांची लागणूक जावंक ना. सुरवेक आनी वेळार पेरणी वाडिल्ल्यानय फाटल्या वर्साच्या तुळेंत ह्या वर्सा उत्पादन वाडपाक योगदान मेळ्ळें

आकाशवाणीपणजी केंद्राच्या खबर विभागावरवी कंत्राटी पाधातीचेर खबरा निवेदक घेव्पाचे आसात .पात्र उमेदवाराकडल्यान त्या खातीर अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचे असा . तशेच पिराय २१ ते 50 वर्सा आसपाक जाय . अर्ज करपाची निमाणी तारीक १७ मे २०२६ आसा.

आय पी एल क्रिकेट सर्तीन आयज दुसऱ्या मॅचींत लखनौ सुपर जायंटस आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदीं खेळ जातलो .आयज सांजेवेळा लखनौच्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकना क्रिकेट स्टेडियमांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

भारत हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत देशाच्या वायव्य आनी मध्य भागांचेर उश्णताय ल्हारांचो अदमास काडला .आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां मेरेन जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तर प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी दिल्ली हांगा उश्णताय ल्हारांचो परिस्थिती निर्माण जातली.फाल्यां ओडिशा आनी तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर बिरेस्तारा उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती उर्तली . तशेंच पंजाब, उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ दिल्ली, मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगडांत रातच्या वेळार उश्णतायेची शक्यताय आसा अशें सांगलां.फाल्यां अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयाचेर काय सुवातेर पावस पडटलो असो अदमास खात्यान उक्तायला..